१३-०८-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो

**पासिंग आऊट परेड 270**

**पुलिस अकादमीत प्रशिक्षण घेतिल्या गोंयच्या IRB पुलिसांच्या तुकडीची पासिंग आऊट परेड काल जाली. फाटल्या १० म्हयन्यात गोंयच्या ७०० पुलिसांचे ह्या अकादमीत प्रशिक्षण जाला. हांतुन ५६९ दादले आनी १३१ बांयला पुलिसांचो आसपाव आसा.ह्या गोंय पुलिशेच्या पासिंग आऊट परेडीच्या कार्यावळीक गोंयचे मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत,तशेंच आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्ता बिस्वा शर्मा, आसामचे शार उदरगत खात्याचे मंत्री अतुल बोरा, आसामची वित्त मंत्री आजंन्ता नेओग, आसामचे पुलिशेचे DGP हरमित सिंग, गोंय पुलिशेचे DGP आलोक कुमार तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार मानेस्तांनी पुलिस परेडीचे निरीक्षण केले. ह्या वर्सा मणिपुरच्या २ हजार पुलिसांक लचित बरफूकन पुलिस अकादमीन प्रशिक्षण दिला. जाल्यार मणिपुरच्या पुलिशे उपरांत आता गोंयच्या ७०० पुलिसांक प्रशिक्षण दिला.देशातल्या वेगेवेगळ्या राज्यातल्या पुलिसांक प्रशिक्षणा सयत आता भुतान देशाच्य सरकारान लेगीत आसामच्या ह्या पुलिस अकादमीन भुतानच्या पुलिसांक प्रशिक्षण दिवची अशी मागणी केल्या अशी म्हायती आसाम पुलिशेचे DGP हरमित सिंग, हांणी दिली. जाल्यार गोंय राज्य आनी आसाम राज्य भौगोलिक रित्या पयस आसात, गोंय सराकरान आसामच्या पुलिस अकादमीत**

गोंय पुलिशेक प्रशिक्षण दिवपाक धाडील्यान आसामचे मुखेलमंत्री हिमांन्ता बिस्वा शर्मा हांणी गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे उपकार मानल्यात. गोंय राज्यासयत देशाच्या सेवेत ह्या पुलिशेन सदाच तप्तर रावचे अशे आवाहन तांणी ह्यावेळार नव्या प्रशिक्षित जाल्या पुलिसांक केला.

BYTE- HIMANTA BISWA SARMA ( ASSAM CM)

गोंयचे मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विकसित भारतावांगडा विकसित गोंय करतना पुलिसांची सेवा नागरीकांक न्याय दिवपाच्या नदरेतल्यान महत्वाची आसा अशे म्हणला. गोंय सुरक्षित, पाचवेचार, स्वच्छ,दवरपाची मोख राज्य सराकरान दवरला. पुलिस कोन्सेटबल हो पुलिस सेवेतलो मुळावो घटक, तुमच्या प्रशिक्षणातल्यान गोंयची न्यायवेवस्था आनीक घटमुट जातली असो विस्वास ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

म्हादय लवाद 90

गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटक या तीन राज्यामदलो म्हादय उदकाचो वाद सुटावो जावपा खातीर स्थापन जाल्या म्हादय लवादाक आता एका वर्साची मुजतवाड मेळ्या. हे विशीची अधिसूचोवणी केंद्रान जारी केल्या. 16 ऑगस्ट 2026 मेरेन आता मुजतवाड दिल्या. गोंय, महाराष्ट्र आनी कर्नाटक ह्या तीन राज्यामदलो उदकाचो वाद सुटावो जावपा खातीर नोव्हेंबर 2010 वर्सा म्हादय लवादाची स्थापना केल्ली. आंतरराज्य उदका वाद कायदो 1956 खाला म्हादय लवादाची स्थापना जाल्ली. 15

नोव्हेंबर 2013 मेरेन लवादाक निवाडो दिवपाचो आशिल्लो. हे मुजतीत निवाडो दिवप शक्य जावंक नाशिल्ले कारणान लवादाक मुजतवाड मेळात रावली. आता 16 ऑगस्ट 2026 मेरेन म्हादय लवादाची मुजत आसा.

नशा मुक्त भारत अभियान - ९०

भारत सरकारच्या सामाजिक न्याय आनी सबळीकरण मंत्रालयान सुरू केल्ले 'नशा मुक्त भारत अभियान' मुखार व्हरपाक राज्यातल्या सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी तेको दिवंचो अशे आवाहन शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी केला. हे अभियन सुरू करून आंदू ५ वर्सां जातात. ते निमतान फाल्यां १३ ऑगस्टाक नशा मुक्ती खातीरची प्रतिबद्धताय उक्तावपाक 'जाहीर सोपूत' घेवपाची कार्यावळ सगळ्यां शाळांनी करची अशें आवाहन राज्य शिक्षण संचालनालयान एका परिपत्रकावरवी केलां. नशा मुक्ती अभियानाखाला ३१ ऑगस्ट मेरेन जागृताये खातीरच्यो वेगवेगळ्यो कार्यावळी आंखच्यो अशें शिक्षण संचालक झिंगडे हांणी मागला.

मसण देवीची जत्रा - ८०

दिवचल तालुक्यात नार्वे गावात नवसाक पावपी देवी मसण देवीची जत्रा काल व्हडा उमेदीन आनी भक्ती भावान मनयली. दर वर्सा श्रावण महिन्यातल्या तिसऱ्या मंगळारा ही नामनेची जात्रा जाता .श्रीदेवी मसण देवीच्या जात्रेच्या निमतान काल

सकाळसावन नार्वे गावात विंगड विंगड धार्मिक कार्यावळी तशेच विधी जाले .हे कार्यावळीक मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेठ ,जिल्लो पंचायत वांगडी शंकर चोडणकर तशेच हेर भक्तांनी भेट दिली. नार्वे गावातली देवी श्री मसण देवीची जत्रा ही एक खाशेली जात्रा असून हे जत्रेत चवथीक लागपी माटोळीची लाकडाच्यो वस्तू तशेच पाट तशेच हेर लाकडाच्यो वस्तू मेळटात.

IMD 55

राज्यात फाटल्या दोन दिसात काय वाठारांनी पावस पडला. फुडलो सप्तकभर कांय वाठारांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता असो अदमास गोंय वेदशाळेन उक्तायला. तशेच वारे वराक ३० ते ४० किमी वेगान व्हावतले आनी ताचो वेग ५० किमी मेरेन वाडू येता असो अदमासूय गोंय वेदशाळेन उक्तायला.

ड्युरंड कप फुटबॉल -

काल इम्फाळमध्ये जाल्ल्या १३४ व्या ड्युरंड कप फुटबॉल सर्तीतल्या खेळात टीआरएयू एफसीक हारोवरोवन भारतीय नौदल एफटीन उपांत्यपूर्व फेरीयेत पावल घाले.

पिंटू मेहता आनी श्रेयस व्हीजी हांच्या गोलाक लागून भारतीय नौदल एफटीन टीआरएयू एफसीक २-१ अशें हारयले.